नागमणी

संजय गुणाजी

2863
Story Dev
SAN

नागमणी

संजय गुणाजी

जैत प्रकाशन

L: B01-R03 (Rev. A)
0008863-A

नागमणी

- संजय गुणाजी

✽ प्रकाशन क्र. २२

✽ उजवाडावणी - २००४

✽ उजवाडावपी:
जैत प्रकाशन
कोरली, तिसवाडी
गोंय - ४०३११०
फोनः २२८४६३७

✽ छापपी:
सह्याद्री ऑफसेट सिस्टम
कोरली, गोंय - ४०३ ११०

✽ अक्षरजूळणी:
कलाकृती,
पणजी - गोंय
फोनः २४२६५२६

✽ कव्हर आनी चित्रां
आनंद कवठणकार

✽ मोलः २०

2863
Story > Dev
SAN

ISBN81-86487-99-X

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या बालसाहित्य प्रकाशन अनुदान येवजणेखाला छापलां.

मांडावळ

१. नागमणी..............................५

२. नावडुचीं निमणीं उतरां..................८

३. राजाचो शेणिल्लो पूत...................१०

४. रानातलो कोलो गांवांत पावलो..........१३

५. राग सोडलो............................१६

६. फट....................................१९

७. मोनो...................................२२

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No : 002863

नागमणी

एका गांवात रामू नावाचो भुरगो रावतालो. ताजे आवय बापूय गरीब आशिल्ले. दोन वेळचे जेवण मेळपाक पातिशेर. रामू जरी गरीब आशिल्लो तरी नेमान शाळेत वच. अभ्यासानूय तो हुशार आशिल्लो. ताज्या मनाक एकूच खंत आशिल्लीं ती म्हळ्यार बाकिच्या भुरग्यांभशेन ताज्यो इत्सा पूर्ण जायनाशिल्ल्यो. बाकिचे भुरगे बरे बरे कपडे, नवीं नवीं पुस्तकां शाळेन येतना हाडटाले पूण हाज्या नशिबान तशें कांयच नाशिल्लें. ताजे गरिबीची सगळे इश्ट फकाणा मारताले.

असोच एक दीस शाळा सुट्टकच चिंतत चिंतत तो भलतेचकडेन पावलो. जेन्ना तो भानार आयलो तेन्ना ताका कळ्ळें कि तो वाट चुकलो. कितें करचें ह्या विचारान बरोच वेळ उरलो. ताणें आपल्या भोंवतणी पळयलें आनी आपूण एका भयानगरीन पावलो काय म्हणून

दिसलें. तें जग खूबच सोबित आशिल्लें.

थंय तरातरांची फळाफुलांची झाडां आशिल्लीं. वेगवेगळे पक्षी आपल्या सुंदर आवाजांत पदां म्हणटाले. एक सुंदर झरो नागमोडी वळणां घेत पयस गेल्लो. ताजें रूपांतर एके सुंदर तळयेन जाल्लें. अजापाची गजाल म्हळ्यार ते तळयेन सात रंगाची कमळां फुलिल्लीं.

अचळय ताजें लक्ष तळयेन आशिल्ल्या पेडार गेले. थंय एक मनीस, दोळे बंद करून बशिल्लो. ताजीं पावलां ते दिकेन वचपाक लागलीं. त्या मनशाक ताजो आवाज आयकूंक आयला आसूंये. ताणे डोळे उगडले. धीरगंभीरतायेन तो रामूक पळोवंक लागलो,

'बाब तूं हांगा कसो पावलो?' हांगासून भायर सरप म्हाकठीण. रामूकय खबर नाशिल्लें कि तो हांगा कसो पावलो.

'बाबा तुमी म्हाका वाट दाखयशात?' अशें म्हणून ताणें आपली सगली कर्मदळिद्री काणीं बाबाक सांगली. बाबाकय ताजे चुरचुरे दिसले.

बाबान ताका तीन रस्ते दाखयले. उजव्या रस्त्यान वतकच दोन धोली मेळटल्यो. तातूंतले दावे धोलींतल्यान वच. थंय तुका एक खोप मेळटली ते खोपींच्या दारान एक सोरोप निवणें करून आसतलो. ताका तुज्या हाताची फडा करून दाखय तो थंयसून नाच्च जातलो. भितर एक पेटी आसतली. तातूंत एक नागमणी आसतलो तो हातांत आयल्या बरोबर तुका वाट मेळटली. जो मेरेन तो मणी तुजेकडेन आसतलो तो मेरेन तुज्यो सगल्यो इत्सा पूर्ण जातल्यो. फकत एकूच्च कर तो मणी मात जमनीर पडपाक दिवनाका. नाजाल्यार तुजें सगले मेळिल्लें वैभव नाच्च जातलें.

रामू बाबान सांगिल्ल्या मार्गान गेलो. मणी हातांत पडनाफुडें ताका सगली याद जाली. ताजें घर शाळा, सगलें दोळ्यामुखार दिसपाक लागलें. मायानगरीचो मागमुसूय नाशिल्लो.

रामू उमेदीन घरा आयलो. तो घरांतल्यान ना जाल्यार आज आठ दीस जाल्ले. सगलीं ताज्या हुसक्यान पडिल्लीं. घडिल्ली सगली

गजाल ताणें आपल्या आवयबापायक सांगलीं. सगल्यांक खोस जाली कि ती आतां गिरेस्त जातली.

रामून मणी हातांत घेवन आपल्या खोपीच्या जाग्यार एक मोटो वाडो जावचो अशी आस बाळगली. तशी ती खोप नाच जावन थंय एक व्हडलो वाडो दिसपाक लागलो.

नोकर चाकर सगले ताजे सेवेक तयार आशिल्ले. अशेतरेन ताणें आपल्यो सगल्यो इत्सा पूर्ण करून घेतल्यो. ताज्या आंगावयले पिंजके कपडे वचून त्या जाग्यार नवे आनी उंची कपडे आयलें. ताजे इश्ट जे फकाणां करताले ते आतां ताका मान दिवपाक लागले. आतां शाळेंतलो मास्तर ताका घरा येवन शिकयतालो. रामूक आतां कसलीच काळजी उरूंक नाशिल्ली.

ल्हवू ल्हवू बाबान कितें सांगिल्लें तें रामू विसरून गेल्लो. एक दीस असोच वेळ वचपाखातीर रामू आपल्या बोल्सांतलो मणी काडून ह्या हातांतलो त्या हातांत असो खेळ करपाक लागलो आनी हांगाच घात जालो. रामुच्या हातांतल्यान मणी सुळ्ळकरून जमनीर पडलो. पारो जसो हाताक लागना तसो तो हाताक लागना जालो. ताणें एकूच हुयेल मारली. ताजें सगलें वैभव नाच्च जालें. तो परतून एकदां खोपींतच आशिल्लो, 'देवा रे म्हजें सगलें ना जालें रे. धांवा रे कोणूच तरी तो मणी म्हाका दियात रे. तो बेशुद्ध जालो.

रामूच्या तोंडार उदकाचे फवारे पडूंक लागले. रामूक जाग आयली. तरीय तो मणी...मणी अशें बडबडपाक लागलो. आवयन ताका पुराय जागो केलो.

'सपनेलो काय कितें रे?' आवयन म्हळें तीं पुस्तकां रातचीं वाचपाचीं बंद कर. आमी गरीब. तूं शिकून व्हड जाल्या शिवाय आमकां बरे दीस कशे येतले. सपनांत कितें घडलें तें येवजून ताका हांसपाक आयलें.

नावडुचीं निमाणीं उतरां



एकदां एका गांवांत रघुविर नांवाचो मनीस रावतालो. ताका दोन बायलो आशिल्ल्यो. आवडू आनी नावडू. आवडूचेर तो मोग करी जाल्यार नावडूक कुस्कुटासमान लेखी. नावडू सदांच हांतरूणाक तेकिल्ली ताका लागून तो ताजो चडूच दुस्वास करी. तांकां दोगांकय दोन चले आशिल्ले. आवडूच्या चल्याचें नांव जय जाल्यार नावडुच्या चल्याचें नांव आशिल्लें विजय.

घरांतलो सगळो कारभार आवडू चलयतालें. ती सदांच नावडुच्या चल्याचो दुस्वास करी. ताका खोटांनी मार, उपाशी दवर, बंदखणेंत घाल असले नाना तरेचे उपदव्याप ती करी. नावडू हांतरूणार पडिल्लेकडेन सगलें पळयताली. पूण त्या कैदाशिणी फुडें ती कांयच करूं शकनाशिल्ली. एक दोनदां तिणे घोवाक सांगपाचो यत्न केलो पूण घोवान कानामनार घेवंकना.

दीस अशेच वताले. नावडुचें दुखणे सुमारा भायर पावलें. तिणें मनांत चिंतले. आतां काय हांव चड दीस काडूंक पावना. निमाणे घडयेक

आवडूक आपल्या म्हऱ्यान आपयलें. ‘म्हजे भयणी हांव आतां मरता. निदान हांव मरतकच तरी म्हज्या पुताचो सांबाळ बरे तरेन कर’, नावडू आवडुची एक वायट खोड जाणा आशिल्ली. तिणे तर तिका कसलीय गजाल कर म्हणून सांगली जाल्यार ती ताज्या उरफाटें वागतली. अशें चिंतून नावडून तिका तिज्या चल्याक बाजाराक धाडनाका. शाळेन धाडनाका, ताजेकडल्यान खूब काम करून घे. तशेंच ताका फळफळीत शीत वाड. दिकळ्याचें वाडूं नाका. रोस हुमण वयलें वयलें वाड, पोंदसून दाय मारून वाडूं नाका अशो कितल्योशोच न्हयकरी गजाली तिज्या मनान कोरांतल्यो आनी तिणें दोळे धांपले.

आवडूक दिसलें हातूंत कितें तरी नावडुचें गुपीत आसा. नाजाल्यार खंयचीं आवय आपल्या भुरग्याचें अशें वायट चिंतत?

दुसऱ्या दिसा सावन आवडून आपलो कारभार परतून चलोवपाक सुरू केलो. तिणे ताका सदांच शाळेन धाडचो, शाळेंतल्यान आयल्या बरोबर ताका दिकळ्याच्या शितान वाडप, रोस हुमण पोंदच्यान दाय मारून वाडप. ताका बाजारांत धाडप तशेंच ताजेकडल्यान भरपूर काम करून घेवप.

आपल्या पुताक मात गुळाचो गणपती कसो मकरान बसयलो. ह्याजो परिणाम जावपाचो तोच जालो. नावडुचो चलो हुशार जालो. ह्याडापेरान बरी मातलो आनी मानादीक तरणाटो म्हूण गांवांत नामनां जोडूंक पावलो.

आवडुचो चलो अरवळ आनी एरंड कसो वाडलो. बऱ्याच तेंपान आवडुच्या नदरेंत ही गजाल आयली. तिका कळ्ळें की नावडून आपल्या अज्ञानाचो फायदो घेतलो पूण आतां कळून उपयोग कितें? जावपाचें ते जावन गेलें. तशीच आवडू आनी तिजो घोव म्हातारीं जावंक पाविल्लीं. आवडून विचार केलो आतांय जर आमी ताजो दुस्वास केलो जाल्यार तो तांकां घरांतल्यान धांवडावन घालतलो.

आवडू आतां नावडुच्या चल्याक मान दिवपाक लागलें. आपलो गुन्यांव ताका सांगलो. नावडूच्या चल्याचेरय बरी शिकवण आशिल्ल्यान ताणें तांकां माफ केले. बरे तरेन तो तिगांचोय सांबाळ करपाक लागलो.

राजाचो शेणिल्लो पूत

एका गांवांत एक तवनास भुरगो आपले आवय बरोबर रावतालो. एरंड कसो वाडिल्लो पूण ताका बुद्ध नाशिल्ली. तो शिकूंकय पावलो ना. ताजी आवय ताजे फाटल्यान सदांच आड्डताली.

'आरे पोराऽऽ कितें तरी काम कर. सदांच कोण तुका फुकटें घालतलो. म्हजे दीस सोंपले.' पूण हाज्या आळशीपणाक लागून ताका कोणूच कामाक पातयेनाशिल्लो.

एक दीस असोच हेवटेन तेवटेन भोंवडेक वतना ताका कुंदनपूर राज्यांतल्या राजाची दवंडी आयकुपाक मेळ्ळी. राजाचो शिपाय व्हडल्या आवाजान 'आयकात... आयकात. कंदुनपूर राज्यांतल्या

राजाचो पूत विरसेन हो आठ दिसां सावन शेणला. ताका सोदून हाडटल्याक राजा आपलें अर्दे राज्य दितलो... हो...हो...' धोलक्याचो आवाज पयस पयस गेलो.

ताणे थारायलें की आपल्याक काम मेळना. निदान राजालो पूत तरी मेळटा जाल्यार पळोवया. घरा पावतकीच ताणे हो विचार आवयकडेन उक्तायलो. आवयन ताका येवकार दिलो. पूत आपलो कितें तरी करून दाखयता हाजीच तिका खोस जालीं.

तो भायर सरलो. आवयन सात आठ दीस पावसारखे भूकलाडू आनी तानलाडू पोटलेन बांदून दिले. दोन दीस जमनीक फाट तेकयनासतना तो चलतालो. पोटलेंतले खाण अर्दे जाल्लें. सगलीं गांवां फाटीं पडलीं ताजे मुखार आतां व्हडले रान आशिल्लें. दिसा उजवाडे किट्ट काळोख फांकिल्लो. पायांकडेन ह्य न्हयशे दिसताले. मदींच कोल्या वागाचे आवाज काळीज चिरीत वताले. देवाचे नांव घेत तो भितर सरलो.

पांच, स दीस तरी तो चललो जातलो. ताजें खाण सोंपलें. आतां फुडें कितें? पूण ताणे नेट सोडलोना. तो चलत रावलो. अचळय पयसच्च्यान कसलीतरी 'वस्त' कशी वस्तू लखलखता ती दिश्टी पडली. तो लागीं पावलो. पळयत जाल्यार जरीची तोपी. ताणे ती तकलेक घाली. ताका ती जिस्त जाली. तो तसोच्च फुडें गेलो. थंय एक बांय आशिल्ली. आनी बांयच्चे धडयेक राजकुंवर घालता तसली मुस्तायकी. सट्ट करून ताका दिसलें की हें सगलें राजाल्या पुताचें. ताका कोणे तरी जिवो मारला आनी बांयंत उडयला. ताणे त्या खोल बांयंत पळयले पूण भितर गुप्प काळोख आशिल्ल्यान ताका कांयच दिसलें ना. ताणें ही खबर, राजाक सांगपाची थारयली. मुस्तायकी आंगांत घाली नीय तिका जिस्त जाली. माथ्यार जरीची तोपी, आंगार राजकुवंराचे कपडे अशा भेसान तो वचपाक लागलो. निमाणे रान सोंपले. पयरसून एक शार दिश्टी पडटालें.

सकाळींफुडे तो त्या शारांत पावलो. कोणाक तरी ताणे विचारलें

ह्या शाराचे नांव कितें? ताका लोकांनी कंदुनपूर म्हूण सांगले. पूण इतल्या मजगतीं एक अप्रुप घडटालें. मेळत तो मनीस ताका सलाम मारतालो. थंय राजाचें शिपाय आशिल्ले तांचें हाजेर लक्ष गेलें. ताका पळोवन तेय सलाम करपाक लागले. ताका कितें घडटा तेंच कळनाशिल्लें. थोड्याश्या शिपायांनी 'विरसेन राजकुंवराक जैत मेळूं' असो ताका येवकार दिलो. सगळे लोक राजवाड्याकडेन वचपाचो ताका आगरो करपाक लागले. तो समजलो. लोक ताका शेणिल्लो राजाचो पूत अशें समजल्यात. पूण हें कशें शक्य आसा?

जेन्ना ताका सगल्या लोकांनी आनी शिपायांनी मेळून राजाकडेन व्हेलो तेन्ना राजान ताका कडकडून वेंग मारली.

राजन विचारलें, 'पुता, इतले दीस म्हाका सोडून तूं खंय गेल्लो?' ताणें खरें तेंच राजाक सांगलें. 'महाराज हांव तुमचो पूत न्ही. तुमची दवंडी आयकून तुमच्या पुताक सोदपाक हांव भायर सरिल्लो. पुण तुमी म्हाकाच विरसेन समजुपाक लागल्यात.' राजान पळयलें की ताज्या पुताच्या रूपांत आनी हाज्या रूपांतय बरेंच सारखेंपण आसा. ताणे प्रधानाक चौकशी करपाक फर्मायलें तेन्ना कळ्ळें की राजाक दोन जुवळे भुरगे जाल्ले. वैजीणीन पयशाचे आशेन तो भुरगो एका गिरेस्त व्यापाराक विकिल्लो. पूण जेन्ना तो राजाचो म्हूण ताका कळ्ळो तेन्ना ताणं त्या भुरग्याक एका देवळान दवरून आपूण पसार जालो.

ताणें राजाक सुरवातीपासून निमाणेमेरेन सगल्यो गजाली सांगल्यो. राजान शिपायांक रानांत धाडून चोरांनी लिपयल्ल्या विरसेनाक सोदन काडलो. आनी सगल्या चोरांक ख्यास्त भोगयली. तशेंच ताका पोशिल्ले आवयक मानान राजवाड्यांत हाडली. ताजें नांव ताणं धीरसेन दवरलें.

रानांतलो कोलो गांवांत पावलो



जायते फावट तुमी कोल्याच्यो काणयो आयकल्या आसुंयेत. तेन्ना कोल्याच्या काणयांनी म्हजे एके काणयेची भर घालतां. ती तुमकां आवडटली अशी आस्त बाळगितां.

एकदां एका अटंग्या रानांत एक कोलो रावतालो. असोच एकदां फिरतां फिरतां तो रान सोंपता थंय एका माळार पावलो. माळ बरोच उंचेल्या पांवड्यार आशिल्ल्यान वयरसून ताका केन्नाच दिश्ठी पड्ूक नाशिल्ले बरेंच कितें कितें पळोवपाक मेळ्ळें. ताणे व्हडल्यान आवाज करीत वचपी गाड्यो पळयल्यो. ताका व्हडलीं व्हडलीं घरां. बिल्डींगो दिसल्यो, तशेंच कितलेशेच लोक जळामळाक एकमेकांबरोबर उलयतना दिसले. ह्याजेपयलीं ताजी सगळी भोंवडी रानांतूच गेल्ल्या कारणान ताका ताजें खूबच अप्रूप दिसलें. त्याच दिसा कोल्यान ती येरादारी खूब वेळ मेरेन पळयली. त्याच चिंतनात तो परत आपल्या थळार गेलो. ताजे उपरांत बरेंच दीस जाले. कोलो रानांत जायती भोंवडी करतालो, सावजां मारतालो पूण मनान ताका परतून त्या माळार वचपाचो ध्यास लागिल्लो. ताणें पळयल्ल्या अप्रुपांचे पिशेंच ताजे तकलेंतल्यान कशेंच

वचूंकना. ताणें परतें थंय वचपाचें थारायलें.

दुसऱ्या दिसा जेन्ना तो थंय पावलो तेन्ना ताणें बरेंशें खडप पळोवन बसकण मारली. तान-भूक हरपून सकयल्या सैमाचो स्वाद घेतलो. निमणें बसून बसून ताजें आंग मुयेलें. ताज्या मनांत आयलें. "असोच हांव गांवांत गेलो जाल्यार?'' विचार येवपाची फुरसद ताणें रोखडेंच वचपाचें थारांयलें. शिवाय ताका एका जाग्यार बसून बसून भुकय लागिल्ली. तो आशेन गांवच्या रस्त्यार पावलो.

कोलो दिसा उजवाडे रस्त्यार आयलो तें पळोवन लोक अजाप करताले. भुरग्यांनी कोलो कोलो म्हण बशींतल्यान तकली भायर काडून गाडीमाथ्यार घेतली. कोल्याक हें पळोवन भरपूर उमेद जाली. ताणेंय एक दोनदां मोठ्यामोठ्यान कूयो मारल्यो. इतल्यान आनी एके गाडयेंतल्यान ताजेर एका मनशान पाव मोखून मारलो. पयलीं आंग काडून तो कुशीक सरलो. मागीर धिरान फुडें येवन ताजो वास घेतलो. तो वास ताज्या नाकांत सामको भरलो. ताणें तो पाव मोटे रूचीन खाल्लो. हरशीं सदांच सावजां खावन खावन कंटाळिल्लो पावासारकिल्लें पक्कान खातकीच ताका ताजी गांठ लागली तो आंवड्यार आवंडे घोटूंक लागलो. गांवांत वचून कसोय करून पाव फारावपाचें ताणें थारायलें. पूण दिसा उजवाडे गेल्यार लोकांची भिरात आशिल्ली. म्हणून काळोख जातकच गांवांत वचपाचें थारायलें.

काळोख जालो. सगळेकडेन किण्ण जालें. कोलो गांवांचे दिकेन वचपाक भायर सरलो. जेन्ना तो गांवांत पावलो तेन्ना रातचीं धा वरां जाल्लीं. लोकांच्या घरा-घरांतसून तरातरांचे वास ताज्या नाकांत रिगताले. पूण जाय तो वास ताका येना आशिल्लो. ते राती कोल्याचें नशीब खऱ्यांनीच बरें आशिल्ले. ताका जाय तो वास एका घरांतल्यान येतालो. त्या घरांत पाव करपाचे खोर्न आशिल्लें. ताणें एक लांब श्वास घेवन तो वास शिरा-शिरंत्रानी भरून घेतलो. अळंग पावलांनी त्या घराकडेन पावलो त्या खोर्नाचें दार बेठेंच आड कल्ल. कोल्यान आपलीं सोंड ल्हवूच भितर घाली. किलकिल्या दोळ्यांनी विस्त मारली पदेर

आपल्या कामांत घुस्पल्लो. पावाच्या राशी दिश्टी पडटाल्यो. कोल्यान आनी थार करूंक ना एका पास्ताक घांस मारलो. तितल्यात ज्युस्त पदेरान ताका पळयलो, "कोलो... कोलो"अशो आड्डी मारून तो ताजे फाटीक लागलो. कोलो आपलो तोंडांत पावाचें पास्त धरून सोंड वयर करून धांवतालो. तितल्यांत बांयचे धडेवयल्यान धबांयच करून भितर केन्ना पडलो हेंच कोल्याक समजूंक ना. बांयंत पडटाना कोल्याक पदेरान पळयलो. ताका दिशिल्लें तो मेलो म्हूण पूण कोलो बांयंत वाडिल्ल्या झाडांनी घुस्पून अळंग उदकांत पडिल्ल्यान मरूंकना. ती संबंद रात उदकांत कुडकुडत काडली. पाव खंयच्याखंय शेणिल्लो. बांयच्या तळाक आशिल्ल्या एका खडपाक नाकटां रोमून तो ओग्गी पडिल्लो. कोल्यान जिवाची आशा सामकी सोडली.

फांतोड जाली. लोक बांयचेर उदक व्हरपाक आयले. तातूंतल्या एकल्याचें लक्ष भितर आशिल्ल्या कोल्याचेर गेलें. "कोलो कोलो"म्हणून त्या मनशान वयल्यान हुयेल्यो मारल्यो. तितल्यांत कोलोय सादूर जालो. आपूण जितो आसा म्हणून तांका कळ्ळें जाल्यार आपलीं धडगत ना अशें म्हणून ताणे मेल्ल्याचें सवंग वळोवपाचें थारायलें. लोकांनी आतां बांयचेर बरीच गर्दी केल्ली. कोलो मेल्ल्यासारखो पडून राविल्लो. कोणें तरी ताका वयर काडपाखातीर गरो आनी पाटलो हाडलो. कोल्याक वयर काडलो. इतलो वेळ मेरेन कोल्यान आपलें सवंग बेस बरें वळयिल्लें. वयर काडटकच तो तसोच मेल्ल्यासारखो पडून रावलो. एका भुरग्याक तो खरोच जितो आसा काय ना हाजी उमळशीक लागली. ताणें तोंक आशिल्ली बडी कूच करून कोल्याक तोंपली. बडी तोंपनां फुडें रानांचे दिकेन जिवाच्या आकांतान कोल्यान कूय मारून शेपडी तुटसर धांव मारली. तेन्नाच्यान कोल्याची पावाची गांठ लागिल्ली सुटली. लोक मात 'कोलो मर्तीन भलो' म्हणून येतल्या वतल्या कोल्याची सवंगाची तोखणाय परतून परतून सांगून पोट भरभरून हांसतात.

राग सोडलो



एका गांवांत दामबाब नांवाचो पसरकार रावतालो. दामबाब एकदम तिरसट सभावाचो आशिल्लो. ताज्या तोंडातल्यान बरें उतर म्हणून केन्ना नाशिल्लें. पसऱ्यार आयिल्ल्या प्रत्येक गिरायकाकडेन रागान उलयतालो. गावांत एकूच पसरो आशिल्ल्यान लोकांक झक मारीत ताज्याच पसऱ्यावयलो म्हाल घेवचो पडटालो.

घरा सुद्धा ताजी वागणूक बरी नाशिल्ली. राग ताज्या नाकाच्या शेण्यार बशिल्लो. ताज्या मनासारक घडना जातकच तो आपलो राग बायले भुरग्याचेर काडी. काणूय मळनाजाल्यार सुणी माजरा आशिल्लींच.

एक दीस ताका बुद्द शिकोवपाखातीर गांवांतल्या एका तरनाट्यान स्वताचे हिम्मतीन एक बरो पसरो काडलो. ताजो सभाव मवाळ

आशिल्ल्यान सगल्या गिरायकांक रोखडेच आपलेशे केले. ताका हाजो खूबच फायदो जालो.

हेवटेन दामबाबल्या पसऱ्याक गळटी लागली. गिरायक ताज्या पसऱ्यार येना जालें. म्हाल खपना जावन पिड्ड्यार जावपाक लागलो. पिशें लागपाची पाळी ताजेर आयली. पूण करतलो कितें? निमाणें त्या पसऱ्याचीं बारा वाजलीं.

ताजी चूक ताका कळून आयली. हाजेर उपाय कितें? अशें तो चिततालो. त्याच वेळार गांवांत एक साधू आयलो. मनशाक शांती मेळची म्हणून दामबाब सदांच ताज्या प्रवचनाक वतालो. ताजीं प्रवचनां आयकून दामबाबचेर खऱ्यानीच परिणाम जालो. एक दीस सगले लोक प्रवचन आयकून गेल्या उपरांत दामबाब त्या साधूक मेळ्ळो. ताणे आपली सगली कर्मकाणी साधूक सांगली.

साधून ताका सांगलें 'तुजी चूक तुका कळून आयली हातूंतच तुजी व्हडवीकय दिसून येता. तेन्ना एक वर्स काशीयात्रेक वचून हाजें प्रायश्चीत माग. परतून जेन्ना तूं येतलो तेन्ना तूं एक बरो मनीस म्हणून यो.'

दुसऱ्या दिसा दामबाब तिर्थयात्रेक वचपाक भायर सरल्लो. वतना लोकांकडेन आपले वागणुकेची खंत परगटायली. ताणे फुडें सांगलें वर्सान जेन्ना हांव हांगा येतलो तेन्ना हांव एक सादो मनीस म्हणूनच येतलों. दामबाबान गांव सोडलो.

बरोबर एका वर्सान दामबाब परत आयलो. तो खुबूच निवळ्ळो. लोकांकडेन तो मवाळ उलयतालो. दामबाब ताका वाटेर आपल्याक आयिल्ले सगले अणभव सांगतालो. लोकांक आतां मात खऱ्यांनीच दिसपाक लागलें कि दामबाब आतां पयलींचो उरूंक ना. ताणे आपलो राग खऱ्यांनीच सोडलो.

तिर्थयात्रेकसून आयला म्हणून ताणें एक दीस सत्यनारायण करपाचो थारायलो. गांवच्या सगल्या लोकांक निमंत्रण धाडलें.

दारार रावन दामबाब आयिल्ल्या गेल्ल्याची विचारपूस करी.

ताजेर खूश जावन लोकूय ताका विचारी 'दामबाब तुमी राग बी सोडलो खंय?' दामबाब बरे भशेन तांकां जाप दितालो. 'हय'. मागीर आयिल्लो गेल्लो तेंच विचारपाक लागलो तरी दामबाब पिकार जायनास्तना परतून परतून तेच सांगी 'हय'. 'हय हय' म्हणून ताजो जीव सामको खासावीस जावपाकडेन पावलो. सकाळ ते सांजमेरेन ताजी सगली सहनशक्त सोंपून गेली. आपूण तिर्थयात्रेक वचून बी आयलां हें तो सगलें विसरून गेलो. नकळत तो एका मनशाचेर तिडकलो. 'परतून परतून तेंच तें तुमी म्हाका कितें म्हणून विचारता?' तो तिडकलो हें सगल्या गावांत फों जाले. लोकांनी तांगेरच्यान कुस मारल्ली. दामबाब भानार आयलो ताका ताची चूक कळून आयली. ताका परतून पिकासांव जालें.

मनशाच्या 'सभावक वखद ना हेंच खरें.'

फट

शाळा सुटली. सदांभशेन अशोकान टॅक्सी धरली. टॅक्सीन ताच्या शेजारचीं आनिकूय भुरगीं आशिल्लीं. शिवाय ताची मैत्रीण स्मिताय ताजेबरोबर आयिल्लें. टॅक्सी धांवताली. इतल्यान अशोकाचें लक्ष अचळय स्मीताकडेन गेलें. कसलीतरी वस्त हातांत धरून तें ताजो बटन दाबतालें. अशोक आपल्याकडेन पळयता तें पळोवन बेगीबेगीन ताणें ती वस्त बोटव्यांत घाली. 'आवयस ! पळोवया गो कितें गो ते?' 'ताका कॅलकुलेटर म्हणटात.' 'मात्सो दी मगो.' अशोकान म्हळें, 'हांव ना रे बाबा. डॅडी म्हाका कॅलकुलेटराक कितेंय जायत जाल्यार खातलो.' अशोकान ताका तरेकतरांनी समजायलें. पूण ना तें ना. 'बरें

आसा.' अशोकान म्हळें.

कितलोसोच वेळ तो चिंततालो. सट्ट करून एक कल्पना मनांत आयली. समजा मास्तरानूच फाल्यांच्यान शाळेंत येतना कॅलकुलेटर घेवन येयात अशें सांगला अशें घरा सांगलें जाल्यार? तो जाणा आशिल्लो मास्तराचें नांव सांगीत जाल्यार ती वस्त मेळूंक ना अशें केन्नाच जावंक ना. तेन्ना तर्शीच फट मारपाची अशोकान थारायलें.

अशोक टॅक्सींतल्यान देंवलो. उडयो मारीत घराकडेन गेलो. दार बंद आशिल्लें. म्हणजे डॅडीय घरा पावूंक नाशिल्लो. ताणें सोंपणाखूच बसकण मारली आनी येवजिल्ली फट कशे पद्धतीन मारप हें धोळयत रावलो.

पयशिल्ल्यान ताका आवय कामावेल्यान येतना दिश्टी पडली. भितर सरचेपयलींच ताणें आपलें रडगाणे चालू केलें.

'मम्मा, फाल्यां आमकां मास्तरान कॅलकुलेटर हाडपाक सांगलां. दिता मगे म्हाका घेवन? ना जाल्यार फाल्यां मास्तर शाळेंत घेवचो, ना.

ताचें आवयन अजापान विचारलें, 'कितें कॅलकुलेटर? आरे, तुजो मास्तर पिसावंक बी ना मरे?'

'मम्मी, हाड मगे कॅलकुलेटर.' अशोकान परतनू आपली पिरपीर लायली.

'राव मात्सो पळोवया, डॅडी येतकच ताकाच सांगुया.'

आपली फट पचता म्हणून ताका सू... जालें.

च्या घेवन तो लागींच्याच ग्राउंडार खेळपाक गेलो. थंय स्मीताय आशिल्लें. 'तूं म्हका दिनाशिल्लें मगो कॅलकुलेटर? फाल्या पळय तुज्याकूय बरो हाडटां काय ना? जिबली एकमेकाक दाखोवन दाखोवन तीं खूब वेल चाळयत रावली. इतल्यान अशोकाक आपले मम्मीचो आवाज आयकूंक आयलो. पयससून डॅडीय ताका दिसपाक लागलो. तो धांवतूच घरा आयलो. कळाव जाल्ल्या कारणान आवयच्या पदराक धरूनूच तो भितर सरपाक लागलो.

'हांगा यो' बापायन फर्मायलें, 'हय रे, तुमकां शाळेत कॅलकुलेटर केन्नासावन लागपाक लागलो? आरे, आमच्या तेपार बी. कॉम. चे परिक्षेक लेगीत कॅलकुलेटर वापरूंक मेळूंकना, आनी तुमकां दुसरे तिसरेच्या भुरग्यांक कॅलकुलेटर हाडपाक सांगला ! राव, फाल्यां तुजे शाळेतून येवन त्या मास्तराक विचारतां.'

अशोकाच्या काळजांत फुडले चिंतुनूच कलकल्लें. फट उलयल्यार डॅडीचो मार तो जाणा आशिल्लो. फाल्या खऱ्यांनीच डॅडी शाळेत आयलो जाल्यार? ते रातीं त्याच हुसक्यान तो न्हिदलो. रातचें ताका सपन पडलें. डॅडी शाळेत आयला आनी मास्तराक उजरायता. पूण मास्तरान सांगलें. 'चे.... हांव पिसावलां, काय कितें भुरग्यान कॅलकुलेटर हाड म्हणून सांगपाक? तुज्या पुतान तुका फट मारली आसुंये. 'हय रे अशोक,' तूं फट उलयलो? मास्तरामेजार बडी आशिल्ली ती उखल्ली आनी सगल्या भुरग्यांमुखार ताका प्रसाद दिल्लो.

'नाका, नाका, डॅडी हांव परतून फट मारचों ना.' हुयेल्यो मारीत तो जागो जालो. ताच्या हुयेल्यांनी मम्मी आनी डॅडीय जागीं जालीं.

'कितें जाले रे? असो घामाघुम कित्याक जाला? सपनेलो काय कितें रे?'

'डॅडी, हांवें तुमका फट मारली. मागीर सपनांतली सगली काणी ताणे तांकां सांगली.

डॅडीन म्हळें, पळयलो मरे, फट उलोवपाचो परिणाम? तुवें जर म्हाका खरें सांगिल्लें जाल्यार फाल्यांच आमच्या ऑफिसांतलो कॅलकुलेटर दाखोवंक हाडपाचों. तेन्ना फट केन्नाच मारची न्हय. कसलीय वस्त जाय जाल्यार सत सांगुनूच ती मागून घेवची.

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002863

मोनो

म्हज्या सानुल्या मोगाळ इश्टानो आज हांव तुमकां मोन्याची काणी सांगता. मोनो म्हणटकच तुमच्या दोळ्यामुखार जो कुरवानी आनी आपल्या हावाभावानी दुसऱ्या बरोबर आपलो संवाद सादपी मनीस उबो रावलो न्ही? पूण आज जी काणी हांव सांगता ती मोन्या मनशाची न्ही, जाल्यार मोन्या सुण्याची.

आमच्या घरामुखार एक गुलमोहराचो रूख आसा. मोटवोच आनी ऐसपैस. मे म्हयन्यान तो तांबडोगूंज आसता. पावस सुरू जायमेरेन घसघशीत फुलता. एकदां जसो पावस सुरू जालो की इल्लो इल्लो झडत रावता. मागीर पावसभर पांचवीचार सत्री मोराच्या पिसाऱ्याभशेन फुलोवन आसता.

आमी घरचीं सगळीं ह्या गुलमोहरापोंदा सदांच सांजेचो आदेस बसून काडटात. उबाळाच्या दिसांनी ह्या झाडापोंदा वाऱ्याक बसप म्हळ्यार जीवाक धादोसकाय.

एक दीस अशीच आमी सगळी बशिल्लीं. आमच्या गजालींक बरोच नेट आयिल्लो. तितल्यान सहज म्हजीं नजर आमच्या कुशीक ल्हवूच येवन बशिल्ल्या एका अनामिक सुण्याचेर गेली. हरशीं आमच्या घरच्यांक सुणो म्हळ्यार छत्तीसाचो आकडो. हे पिडेक पळयनाफुडे सगळ्यानी ताजेर एकदम घुरी घातली. तरातरांनी ताका भेकडायलो. सुण्याचें हां ना काय चूं. थंयच्च थपकल मारून गपगार पडिल्लो. खंयसून आयला, खंय वता कांयच कळना. निमाणे आमीच बेजारून ताजो नाद सोडून दिलो. पडना थंय एका कोनश्याक. मनाक मारतकच आपुणूच वतलो. अशी आमी आमची समजूत घाली.

दोन चार दीस जाले. सुणो वचपाचें नांव काडीना. तोंडातल्यान आवाज ना. जायत्या नाडपेन्नानी आमी ताका शिटकायलो. जाब ना. आमकां सगळ्यांक दिसले शेर्थ हो मोनो आसपाक जाय. तेन्नाच्यान 'मोनो' हे ताजे नामाधिकरण आमी केले.

ह्याच दिसांनी म्हजी एक मुंबयची मावशे भयण आयिल्ली. ताजें नाव गीता. पिराय आसतली सात आठ वर्सा. ताका सुण्या माजरांचो खूप सोस. ते ज्या दिसा आयिल्लें त्या दिसा आमचो मोनो ताका गुलमोहरापोंदा बशिल्लो दिश्टी पडलो. रोखडेच गीता ताजेकडेन धावून गेले. आमी ताका परीपरीनी समजायले. आगो तो मोनो, ताका आयकूंक, भुकूंक कांयच येना तेन्ना तो चाबलो जाल्यार बेठेच अपसरण. गीता कोणाचे आयकनासतना मोन्याबरोबर आपली वरांची वरां पिड्ड्यार करपाक लागले. आमीय मागीर गीताचेर दुर्लक्ष केले.

ह्या गजालीक सात आठ दीस जातले. आमकां दिशिल्ले गीतान बेजारून ताजो सांगात सोडला आसतलो. जालो भलतेच. आठव्या दिसा गीतान जे सांगलें तें आयकून आमचो कोणाचोच ताजेर विश्वास बसूंक ना. मोनो आनी भुंकता? मागीर आमकां सगळ्यांक गीतान

भायर हाडले. गीतान त्या सुण्याक मोन्या, मोन्या म्हणून उलो मारलो. मोन्यान गीताचो आवाज आयकनाफुडे टूणकन उडी मारून ताजेकडेन आयलो. 'मोन्या, मोन्या, शेकहँड दी मोन्यान आपलो पाय फुडें काडलो. दावो नाका उजवो मागीर मोन्यान उजवो दिलो. मोन्याच्या करण्यानी आमची बोटां आमी तोंडान घाली. 'ताका जाय जातीचो' अशें म्हणटात तें ह्या कारणाक लागून. गीतान बरेच कश्ट घेवन मोन्याक सुदरायल्लो. ताजी आमी सगळ्यानी तोखणाय केली. सुटी सोपतकच गीता मुंबय गेले पूण आमकां एक इश्ट दिवन गेले.

मोनो आतां खूब हुशार जाला. आमी ताका भरपूर खावपाक पिवपाक दितात. तो आमच्या घराची पोरसाची राखण करता. ताजे जेवणखाण वेळच्या वेळार जाल्ल्या कारणान तो आतां बरोच सुदारला. आतां तो आमकां घरातलोच कसो दिसता. तो मात्सो हेवटेन तेवटेन ना जाल्यार आमचो जीव सकयल वयर जाता.

इश्टानो पळयली मूं मोनजात कितली शाणी आसता? ताजेर फक्त तुमी मोग करात. ते तुमचे जल्माचे इश्ट जातले.

2863
Story -7 Dev
SAN

संजय गुणाजी

- जल्म १३ जानेर १९५८, आंबेशी-पाळी हांगां.
- बी.कॉम. मेरेन शिक्षण. सध्या म्हापशेंच्या ज्ञानप्रसारक मंडळाच्या पी.व्ही.एस्. सरोजनी मधुसुधन कुशे हायर सेंकडरीत अकावंटण म्हूण काम करता.
- चडशें बरप सुनापरान्त ह्या दिसाळयान केलां. हातुंत कथा, कवितांचो, आसपाव जाता. तशेंच पारजतानूय बरयलां.
- आकाशवाणी पणजी केंद्रावयल्यान नाटकुल्यांचे प्रसारण.
- कोंकणी सेवा केंद्र, साखळे गोंय ह्या संस्थेचो क्रियाशील वावूरपी.

जैत प्रकाशन